Panaji

Regional News

1/12/2025

1920 hrs

सर्तीत वाटो घेवन स्वतची कुशळटाय कळता, ताका लागुन तरणाट्यांखतीर  सर्ती महत्वाच्यो आसा. सर्तींच्या माध्मातल्यान कला गुणांक माची मेळटा, आनी तरणाट्याकं राश्ट्रीय पावंडयामेरेन वाटो घेवपाक मेळटा. भारत विकसिकरणान तरणाटे  महत्वाची भुमिका वठयतले. 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे उक्तावण आयज पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाले. त्यावेळार मंत्री रमेश तवडकार उलयताले. युवा पिळगेन जिद्दीन काम केले जाल्यार देशाच्या उदरगतीक व्हडलो हातभार लागतलो अशे मंत्री तवडकार हांणी म्हळे. ह्यावेळार खेळा खात्याचे सचिव संतोश सुखदेव, खेळा आनी युवा संचालनालयाचे संचालक दोतोर अजय गावडे, उप संचालक विजय पवार,  शिक्षक आणी विद्यार्थी, व्हडा संख्येन  हाजीर आशिल्ले.

युवा महोत्सव ही तरणाट्यांखातीर महत्वाची माची जांवन आसा, अशे मत  ह्यावेळरा  अजय गावडे हांणी उक्तायले. विकसित भारत ह्या संक्लपनेचेर आधारीत 1-2 डिसेंबराक जावपी ह्या युवा  महोत्सवात  वेगवेगळया णव सर्तींचे आयोजन केला. कविता, लोकनाच, लोक गीत, तशेचं हेर कार्यावळीचे ह्या महोत्सवावरवी आयोजन केला अशे आयोजकांनी कळीत केले. कार्यावळीची सुरुवात स्वामी विवेकानंद हांच्या फोटवाक हार घालुन जाली.

भारतीय जनता पक्ष जिल्हो पंचायत वेचणुकेच्या उरील्या उमेदवारांची नावां फाल्या जाहिर करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. जिल्हो पंचातीची वेचंणुक लढोवपी उत्तर आनी दक्षीण गोंयच्या 19 उमेदवारांची नांवा भाजपान आयतरा जाहिर केल्ली. आयज  जिल्हो पंचयात वेचंणुकेक उबे रावतना कशा पधद्तीन नेमाचे पालन करचे,  वेचणुक लढयतना कशे तरेची रणनिती आखची, हाचे विंशी ह्या उमेदवारांक आयज पणजे भाजप मुख्यालयात मार्गदर्शन शिबीर आयोजित केल्ले त्यावेळार मुखेलमंत्री उलयताले. ह्यावेळार भाजप गोंय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक आणि पक्षाचे हेर ज्येश्ठ फुडारी हाजीर आशिल्ले. हे फावट भाजपान जिल्हो पंचात वेंचणुकेत नव्या मुखामळांक संद दिल्या. कांय सुवातीचेर आमी अपक्ष

उबे राविल्या उमेदवाराक तेको दितले. ह्या वेंचणुकेत मगो पक्षाक तीन जागे दिवपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिली.

सांगे मतदार संघातल्या संगमपुर वाठारात छत्रपती शिवाजी म्हाराज हाचो 30 फुट काश्याचो पुतळो उबारपाक निधी एकठाय करपाच्य फाटंभुयेंर सांगे मतदारसंघात 'गोश्ट संयुक्त मान अपमानाची' ह्या संगीत नाटकाचे आयोजन केला अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. हो पुतळो उबारपाक सुमार 1 कोटी रुपया खर्च येतलो असो अदमास आसा अशे तांणी म्हळा. 19 डिसेंबर सांजेच्या 7 वराचेर फोंण्या राजीव गांधी कला मंदिरात आनी 21 डिसेंबराक रवींद्र भवन मडगांवा हो नाट्यप्रयोग जातलो. गोंयांत ह्या नाटकाचो प्रयोग पयलेच फावट जातलो. शिवमोगी तशेच संस्कृतीमोग्यानी ह्या नाटकाच्या माध्यमातल्यान छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचो पुतळो उबारपाक देणगीरुपान हातभार लावचो अशे आवाहन विश्वेश्वर सेवा समितीचे वांगडी गोविंद भगत हांणी केला.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर 26 डिसेंबर 2025 ते 2 जानेवारी 2026 मेरेन राज्य पावंड्याचेर गोठो सजावट सर्तीचे आयोजन केला. गोंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता.

संस्थां/पंगड गट सर्तीखातीर पयले 40,000/- रूपयां, दुसरे 35,000/- रूपया आनी तिसरे 30,000/- रूपया, चौथे 25,000/- रूपया आनी पाचवें 20,000/- रूपयांचे इनाम आसतले. तशेंच उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 15,000/- रूपयांची पाच इनामां आसतली.

वैयक्तीक/घरगुती गटाखातीर पयले 25,000/- रूपया, दुसरे 20,000/- रूपया, तिसरे 15,000/- रूपया, चौथे 12,000/- रूपया आनी पाचवे 10,000/- रूपयांचे इनाम आसतले. तशेंच उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांची पाच इनामां आसतली.

सर्तीचे अर्ज 4 डिसेंबर 2025 सावन कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी, रवींद्र भवन, मडगांव, रवींद्र भवन, कुडचडे, रवींद्र भवन, बायणा वास्को, रवींद्र भवन, सांखळी, रवींद्र भवन, काणकोण आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा उपलब्ध आसतले. तशेंच खात्याच्या www.artandculture.goa.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज 18 डिसेंबर 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळेंत सुपूर्द करपाक जाय. उसरा आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर अर्ज करपाची मुजत 15 डिसेंबर 2025 मेरेन वाडयल्या. युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज नमुनो, पात्रतायेचे नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा. इत्सूक युवकांनी ते डावनलोड करून घेवपाक जाता.

पात्र युवक, आपवावूरपी संस्थां आनी हेरांनी पुराय भरिल्ले अर्ज केल्ल्या सेवेचे प्रमाणपत्र आनी दाखल्या सयत ता. 15 डिसेंबर 2025 मेरेन खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा सुपुर्द करचे. अदीक म्हायती खातीर एपीईओ पांडुरंग नाईक, मो. नं. 8830681588 हांचे कडेन संपर्क करचो.

गोंय शालांत मंडळाची शिक्षक पात्रताय चांचणी परीक्षा ९ आनी १० डिसेंबराक जातली. हे परीक्षेक 4 हजार 539 अर्ज आयल्यात. अर्जाची तारीक हालींच सोंपल्या आनी ही परिक्षा गोंय शालांत मंडळान जातली. ते खातीर ऑनलायन अर्ज मांगयल्ले.

पयली परिक्षा 9 डिसेंबराक जातली आनी ताचे खातीर 1857 उमेदवारांनी नोंदणी केल्या. दुसरी परिक्षा 10 डिसेंबराक जातली, ताचे खातीर 2375 उमेदवारांनी नोंदणी केल्या. दोनूय परिक्षे खातीर 307 उमेदवारांनी नोंदणी केल्या आनी वट्ट उमेदवारांची संख्या 4539 आसा.पयली ते आठवी मेरेन शिकोवंक पात्र जावंचे खातीर

ही परिक्षा पास जावप आतां सक्तीचें केलां. 1 ते 5 वर्गा खातीर पयली परिक्षा, 6 ते 8 वर्गा खातीर दुसरी परिक्षा, 6 ते 8 वर्गा खातीर तिसरी परिक्षा आसा. दोनूय दिसांची परिक्षा दनपारां 3 ते 5.30 मेरेन जातली.

भारत सरकाराच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाच्या अंतर्गत स्वायत्त संस्था नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च हे संस्थेन आयज गोंयच्या वास्को-दा-गाम हांगा खाशेलो रुप्या महोत्सवाची यादस्तीक शिक्को प्रकाशित करून २५ वो वर्धापन दिस मनायलो.

हे कार्यावळीक गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर आशील्ले. महाराष्ट्र सर्कलाचे मुखेल पोस्टमास्टर जनरल अमिताभ सिंग हांणी मानाचे सोयरे ह्या नात्यान कार्यावळीचें अध्यक्षपद सांबाळ्ळें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण मुरगावांत चंडांत चड ३२.४ डिग्री सेल्सिअस तापमान दाबोळेत तर कमीत कमी २१ डिग्री सेल्सिअस तापमान मुरगाव शारात नोंद जाला. गोयचे हवामान तापट आणि दमटे उरपाचो अदमास हवामान खात्यान उकतायला.